Panaji National 7th May 2025 8.40am

- भारतीय सशस्त्र दळांनी पाकिस्तान आणि पाकव्याप्त जम्मू आणि काश्मीरातल्या णव आतंकवादी सुवातींक लक्ष करून 'ऑपरेशन सिंदूर' सुरू केले.
- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी रातभर ऑपरेशन सिंदूर हाचेर सतत नदर दवरून आशिल्ले.
- 'ऑपरेशन सिंदूर' विशीं सविस्तर म्हायती आयज उपरांत दीतले.
- 'ऑपरेशन सिंदूर' उपरांत देशाच्या उत्तर वाठारांतले जायती विमानतळ व्यावसायिक ऑपरेशन्स खातीर बंद केल्यात.
- नागरी संरक्षण मॉक ड्रिल आयज देशांतल्या **244** जिल्ह्यांनी जातली.
- आयपीएल टी-**20** क्रिकेटांत काल रातीं जाल्ल्या खेळांत गुजरात टायटन्सान मुंबय इंडियन्साक तीन विकेटींनी हारयलो.

**INDIA-OPERATION SINDOOR - 135**

भारतीय सशस्त्र दळान मध्यान रातीं पाकिस्तान आनी पाक व्याप्त जम्मू-काश्मीरांतल्या आतंकवादी मुळाव्या साधनसुविधांचेर हल्लो करून ऑपरेशन सिंदूर सुरू केले. भारताआड आतंकवादी हल्ले ज्या सुवाती वेल्यान निर्देशित आणि नियोजीत केल्ले त्याच सुवातींचेर सशस्त्र दळांनी हलले केले. प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी रातभर ऑपरेशन सिंदूराचेर सतत नदर दवरली.

संरक्षण मंत्रालयान निवेदनांत म्हणलां, वट्ट णव स्थळांचेर लक्ष्य केलां. मंत्रालयान मुखार सांगलें की, सशस्त्र दळांची कृती केंद्रीत, मोजमापित आनी नॉन एस्केलेट्री स्वरुपाचीं आसात. खंयच्याच पाकिस्तानी लश्करी सुविधांक लक्ष्य करूंक ना अशी म्हायती मंत्रालयान दिल्या. तातूंत अशेंय म्हणलां, भारतान लक्ष्य निवडपाचेर आनी अंमलबजावणी पद्दतीचेर बरोच संयम दाखयला.

पहलगामांत जाल्ल्या क्रूर आतंकवादी हल्ल्याचे फाटभुंयेर ही कारवाय केल्या अशें संरक्षण मंत्रालयान सांगलें. ह्या आतंकवादी हल्ल्यांत 25 भारतीय आनी एक

नेपाळी नागरीक मेले. हल्ल्याक जापसालदार आशिल्ल्यांचेर हल्लो करपाची वचनबद्धताय सशस्त्र दळ पुराय करतात अशें तातूंत म्हणलां.

आयज उपरांत 'ऑपरेशन सिंदूर' विशीची सविस्तर म्हायती दितले.

India – Pak – 30

पुंछ-राजौरी क्षेत्रांतल्या भींबर गलींत पाकिस्तानान परतून तोफखान्या वरवीं फारपेट करून युध्दविराम कराराचे उल्लंघन केले अशें भारतीय सैन्यान सांगलां. सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत भारतीय सैन्य संयमी पद्धतीन चोख प्रत्युत्तर दिता अशें सांगलां.

Def Rajnath Singh – 30

भारतीय सैन्यान सुरू केल्ल्या 'ऑपरेशन सिंदूर'चेर संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंग हाणी प्रतिक्रिया दिल्या. संरक्षण मंत्र्यानि सोशल मिडियाचेर "भारत माता की जय." अशे बरयलां. उत्तर प्रदेशाचे मुख्यमंत्री योगी आदित्यनाथ हांणीय भारतीय सैन्याची तोखणाय केली.

Trump – 100

पाकिस्तान आनी पाक व्याप्त काश्मीरात दहशतवादी छावण्यां आड भारतान केल्ल्या कारवाईचेर अमेरिकेचे राष्ट्राध्यक्ष डोनाल्ड ट्रम्प हाणी प्रतिक्रिया दिल्या. कितें तरी घडपाचें आसा हें सगळ्यांक खबर आशिल्लें अशे तांणी म्हळां. तशेंच दोनूय देशां मदलो तणाव बेगीन सुटावो जातलो अशी आशा तांणी व्यक्त केली. मजगतीं, भारत आनी पाकिस्तान हांचे मदीं निर्माण जावपी परिस्थितीचेर आपूण बारीक नदर दवरून आसा अशें अमेरिकेचे विदेश मंत्री मार्को रुबियो हांणी सांगलें.

भारत आनी पाकिस्तान हांचे मदल्या तणावाचेर संयुक्त राष्ट्र सुरक्षा मंडळाचे बंद दाराचे बसकेचेर अमेरिकेच्यो विदेश खात्याच्यो प्रवकता टॅमी ब्रुस हाणी प्रतिक्रिया दिली. पत्रकार परिषदेत उलयतना, ब्रूस हाणी म्हळां अमेरिका दोनूय देशांच्या सरकारां कडेन अनेक पावड्यार संपर्कात आसा.

Flights – 85

पाकिस्तान आनी पाक व्याप्त जम्मू-काश्मीरांत भारतीय सशस्त्र दळांनी हवाई हल्लो केल्ल्यान देशाच्या उत्तर वाठारांतले जायते विमानतळ व्यावसायिक

ऑपरेशन्स खातीर बंद केल्यात. सोशल मिडियाचेर स्पायसजेटान केल्ल्या पोस्टांत धर्मशाळा, लेह, जम्मू, श्रीनगर आनी अमृतसरांतले विमानतळ फुडल्या ऑर्डरा मेरेन बंद दवरल्यात अशें सांगलां. इंडिगोन आपल्या प्रवाशांनीय ह्या विमानतळां वयल्यान फ्लाइटची स्थिती तपासत रावपाचो सल्लो दिला. तेच बरोबर एअर इंडियान जम्मू, श्रीनगर, लेह, जोधपूर, अमृतसर, भुज, जामनगर, चंडीगढ आनी राजकोटाक आयज दनपारां 12 मेरेन विमान सेवा रद्द केल्या. चडशा वेवसायीक विमान कंपनींनी प्रवास सुरू करचे पयलीं फ्लाइटची स्थिती तपासपाचो सल्लो दिला.

मॉक ड्रिल 65

देशाची नागरी संरक्षण तयारी कितली आसा हाचें मुल्यांकन करपा खातीर आज राज्यांक आनी केंद्र शासित प्रदेशांक मॉक ड्रिल करपाक सांगला. देशांतल्या 244 जिल्ह्यांनी नागरी संरक्षण मॉक ड्रिल करपाचो निर्णय घेतला. हो सराव गांव पातळे मेरेन घडोवन हाडपाची येवजण आसा

ह्या मॉक ड्रिलांत हवाई हल्लो शिटकावणी दिवपी प्रणालींची परिणामकारकता, भारतीय वायुसेने कडेन हॉटलायन वा रेडिओ संपर्क दुवे चालीक लावप, नियंत्रण कक्षांची कार्यक्षमताय हाची चांचणी जातली.

SC Maharashtra - 30

सर्वोच्च न्यायालयान काल महाराष्ट्र राज्य वेचणूक आयोगाक राज्यातल्या स्थानिक स्वराज्य संस्थांच्यो वेंचणुको चार आठवड्यां भितर अधिसूचित करपाचे निर्देश दिले. हेर मागास वर्गां खातीर आरक्षणाच्या अंमलबजावणीशी संबंधित खटल्याक लागून ह्यो वेंचणुको २०२२ सावन फुडें धुकल्ल्यात.

PM India 2047 – 160

देश एक गतिमान व्यापार आणि वाणिज्य केंद्र जावपाच्या दिकेंन वाटचाल करता अशे प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हाणी म्हळां. भारत आनी ब्रिटन हांचे मदल्या मुक्त वेपार कराराची तोखणाय करतना प्रधानमंत्र्यान सांगलें, हे कबलाती वरवीं अर्थीक कार्यावळींक चालना मेळटली आनी भारतीय वेवसाय आनी एमएसएमई खातीर नवी संदी निर्माण जातली. नवी दिल्लींत खाजगी television चॅनलाचे परिशदेंत

उलयतना प्रधानमंत्र्यांनी सांगलें, भारतान संयुक्त अरब अमीरात, ऑस्ट्रेलिया आनी मॉरिशस हांचे बरोबर वेपारी करार केल्यात. भारत संवसारा कडेन सक्रीयपणान वावुरता अशें तांणी सांगलें.

2014 वर्सा पयलीं बँकींग क्षेत्र कोसळपाच्या वाटेर आशिल्लो पूण आयज भारताची बँकींग वेवस्था संवसारांतल्या सगळ्यांत बळिश्ट बँकिंग व्यवस्था पैकी एक आसा अशें प्रधानमंत्र्यांनी सांगलें. बँकांक विक्रमी फायदो जाता आनी ठेवीदारांक हे सेवेचो फायदो जाता अशें तांणी सांगलें. हो उल्लेखनीय रुपांतर ताच्या सरकारान चालीक लायिल्ल्या म्हत्वाच्या सुदारणांचो परिणाम, जातूंत हो क्षेत्र घटमूट करपा खातीर ल्हान बँकांचें धोरणात्मक विलीनीकरण करपाचो आस्पाव आसा. ह्या म्हयन्यांत मुंबयंत जाल्ल्या भारताच्या पयल्या संवसारीक ऑडियो व्हिज्युअल मनरिजवण समिट (WAVES) विशीं उलयतना श्री मोदी हांणी सांगलें की ह्या कार्यावळींत संवसारभरांतल्या लोकांनी व्हड प्रमाणांत वांटो घेतिल्लो.

India UK – 95

भारत आणि ब्रिटनान एक महत्त्वाकांक्षी आणि परस्पर फायदेशीर मुक्त व्यापार करार तसेच दुहेरी योगदान करार यशस्वीरित्या पुराय केल्या. प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आणि ब्रिटनचे प्रधानमंत्री केयर स्टारमर हाणी काल टेलेफोना वरवीं जाल्ल्या चर्चेत महत्त्वाकांक्षी आणि परस्पर फायदेशीर भारत-युके मुक्त व्यापार कराराच्या यशस्वी समापनाचे स्वागत केले. प्रधानमंत्री मोदी हांणी सांगलें, ह्या म्हत्वाच्या करारां वरवीं भारत-ब्रिटन व्यापक रणनिती भागीदारी आनीक खोल जातली आनी वेपार, गुंतवणूक, विकास, रोजगार निर्मिती, आनी नवनिर्माणाक चालना मेळटली. घटमूट आणि आनीकूय सुरक्षित अर्थव्यवस्थेच्या तांच्या येवजनेंत जगभरातल्या अर्थव्यवस्थां कडेन युती घटमूट करप आणि व्यापारातल्यो आडमेळीं उणी करप हांचो आस्पाव आसा अशें स्टारमर हांणी सांगलें.

Nadda – 160

आपत्ती टाळपा खातीर आनी उणे करपा खातीर भलायकी आनी कुटुंब कल्याण मंत्री जगत प्रकाश नड्डा हांणी भलायकी सुविधांनी नेमान सुरक्षेचें ऑडिट करपाचेर भर दिला. भलायकी क्षेत्रातली आपत्ती तयारी आणि भलायकी सुविधांनि अग्निसुरक्षा या विषयाचेर नवी दिल्लींत आयोजीत केल्ल्या दोन दिसांच्या दुसऱ्या राष्ट्रीय

कार्यशाळेच्या उक्तावण सत्रात ते उलयताले. भलायकी सेवा संस्था आनी सुविधा आपत्ती प्रतिरोधक करपाचे यत्न सरकार करता अशें नड्डा हांणी सांगलें.

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणीय संस्थांचे नियमित अग्निसुरक्षा सुरक्षेचें ऑडिट करपाची गरज आनी संकश्ट येवचे पयलीं आडावपाचे गरजेचेर भर दिला अशें श्री नड्डा हांणी सांगलें.

तशेंच राज्यांक आनी केंद्रशासित प्रदेशांक जिल्लो पांवड्यार अग्निसुरक्षासप्तक आनी मॉक ड्रिल घडोवन हाडपाची आनी आपत्ती आव्हानांक तोंड दिवपाक भलायकी कर्मचाऱ्यांक प्रशिक्षण दिवपाची सुचोवणी तांणी केल्या. नड्डा हांणी भलायकी सुविधांनी आपत्ती वेवस्थापन करपा खातीर एकत्रीत सरकारी ऑनलायन प्रशिक्षण-आयजीओटी मॉड्यूलाचीय सुरवात केली. ह्या वेळार केंद्रीय भलायकी सचीव पुण्या सलीला श्रीवास्तव हांणी सांगलें, गिमाच्या काळात हॉस्पिटलांत उअग्निसुरक्षेकडे लक्ष दिवप म्हत्वाचें.

IPL – 50

आयपीएल टी-20 क्रिकेटांत काल रातीं वानखेडे स्टेडियमाचेर गुजरात टायटन्सान डकवर्थ-लुईस-स्टर्न(डीएलएस) पद्दतीन मुंबय इंडियन्साक तीन विकेटींनी हारयलो. ह्या जैताक लागून, जीटीन पॉइंट्स टेबलात पयली सुवात मेळयली, तर एमआय चौथ्या सुवातेर घसरला. आयज कोलकाता नाइट रायडर्स आनी चेन्नई सुपर किंग्स हांचे मर्दीं कोलकाताच्या ईडन गार्डन्सांत खेळ जातलो. सांजवेळा 07:30 वरांचेर मॅच सुरू जातली.